**राज्यपालाकडल्यान गोंयच्या लोकांक ईस्टराची परबीं**

ता. 3 एप्रिल 2021

गोंयचे राज्यपाल श्री. भगतसिंग कोश्यारी हांणी गोंयच्या लोकांक आनी खास करून क्रिस्तांव भावांक ईस्टराची काळजासावन परबीं भेटयल्या. राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, ईस्टराच्या खुशालकायेच्या प्रसंगार हांव गोंयच्या लोकांक आनी खास करून क्रिस्तांव भावांक काळजासावन परबीं भेटयता.

ईस्टर हो जेजू क्रिस्ताच्या किर्तवंत पुनर्जीवनाचो दीस. खुरसार मारले उपरांत तीसऱ्या दिसा ताचें पुनर्जीवन जाता. जेजू क्रिस्तान मोग, दया, भावपण आनी भोगसण ह्या ईश्वरी तत्वांची शिकवण दिली, जी आयच्या अनेक वायट प्रवृत्तीनी दुशीत जाल्ल्या संवसारात म्हत्वाची आसा. ह्या ईश्वराच्या पुतान आपल्या जीणेत अडचणीत आशिल्ल्या मानवजातीक उजवाडाची वाट दाखयली.

ईस्टर, जेजू क्रिस्ताच्या पुनर्जीवनाच्या खुशालकायेची परब सुरक्षीत तरेन मनयताना तांची आदर्श तत्वांय आचरणात हाड्या, जेणे करून हो संवसार जीणेखातीर बरें स्थळ जातलें. ह्या वर्साची ईस्टर परब प्रत्येकाच्या जीणेत चड शांतीकाय आनी खुशालकाय घेवन येव, अशें राज्यपाल म्हणटा.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/364

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji